**गोंय आनी कर्नाटकच्या एनसीसी कॅडेट्साचो राज्यपालांच्या हस्तुकीं सत्कार**

ता. 5 मे 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे हस्तुकीं नवी दिल्लीत 2022 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलनात सहभागी जाल्ल्या गोंय आनी कर्नाटकच्या एनसीसी कॅडेट्साचो काल सत्कार जालो.

गोंय विभागाचे फ्लॅग कमांडिंग ऑफिसर रिअर ॲडमिरल विक्रम मेनन, कर्नाटक आनी गोंय एनसीसी विभागाचे डेप्युटी डायरेक्टर जनरल एअर कमोडोर बी. एस. कारवार, २ सिग्नल ट्रेनिंग सेंटरचे कमांडंट ब्रिगेडियर ए.एस.सावणे ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

कार्यक्रमात उलयताना राज्यपालान म्हणले, बरे काम करपी समाजातल्या सगळया थरातल्या लोकांची दखल घेवन तांचे कौतूक करप ही राजभवनाची परंपरा आसा. फाटल्या 10 म्हयन्यांत आमी अशें अनेक कार्यक्रम साजरे केल्यात. राज्यपालान एनसीसी युवकांच्या कामगिरीची तोखणाय करून समाधान उक्तायले.

राज्यपालान फुडें म्हणले, तरणाट्यामदी शिस्त, साहस, देशभक्ती, फुडारपण आनी निःस्वार्थ सेवेची आदर्श भावना वाडीक लावप हो एनसीसीचो उद्देश आसा. एनसीसी तरणाट्यांक सशस्त्र दळांनी भरती जावपाक उर्बा दिता, अशेंय तांणी सांगलें.
प्रजासत्ताक दीस संचलनात सहभागी जवपाची संद मेळप ही अभिमानाची गजाल आसा. संचलनातल्यान देशाच्या शक्तिचे जगामुखार प्रदर्शन करतात. संचलनात सहभागी जावपी तरणाट्यांक देशाचे जबाबदार नागरिक जावपाक प्रेरणा मेळटा, अशें राज्यपालान म्हणलें.

राज्यपालाहस्तुकीं कॅडेट्साक यादस्तिक भेटयले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/322

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji